रश्मि 110

कोंकणी ही गोंयची बोली भाशा,तीका कोणेय कीते म्हणल्यार ते आयकुन घेवप समा जायना,कोणेचे भाशेचो वाद करचो न्ही. तशेच प्रत्येक गोंयकारान कोंकणी उलोवची, बरोवची,वाचची आनी कोंकणी भाशेखातीर काम करात अशे आवाहन मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी शणै गोंयबाब जयंतीच्या कार्यावळीत मुखेल सोयरे म्हण उलयताना केले. कोंकणी भाशेत नवीन साहीत्यीक पिळगी घडपाची गरज आसा. विदेशी भाशांचे गीन्यान आसपाकुच जाय मात आपल्या प्रादेशीक भाशा वीसरची न्ही अशे मुखेलमंत्र्यान ह्यावेळार म्हणले. कोंकणी भाशेत करीयराच्या नदरेतल्यान खुब संद आसा. अनुवादका पासुन हेर कोंकणी पदांखातीर कोंकणी भाशेचे गिन्यान आसप गरजेचे अशे तांणी म्हळा. आपल्या सरकारान कोंकणीच्या उदरगतीखातीर सदाच काम केला.जण एकल्यान कोंकणी भाशेच्या अस्मीताये खातीर आनी उदरगती खातीर काम करचे अशे आवाहन ह्यावेळार मुखेलमंत्री प्रमोद सावंत हांणी केला.

रश्मि 90

भारत देश आता विकसीत देश जाला,देशाक सगळया मळार विकसीत करपाखातीर तरणाट्यांनी तशेच प्रत्येक भारतीय आपापल्या परीन योगदान दीवपाक जाय अशे आवाहन मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी विद्यार्थ्यांक केला. ते विकसित भारत 2047 ह्या विशयाचेर धेंपे म्हाविद्यालयान आयोजीत केल्ल्या संवादाच्या कार्यावळीत मुखेल सोयरे म्हण उलयताले. नारी शक्ती,युवा शक्ति, गरीब कल्याण ह्या घटकांक सक्षम करपाच्या नदरेतल्यान प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचे सरकार काम करता अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा.विकसीत भारत 2047 करतना गोयाक 2037 स्वयंपुर्ण गोय करपाची मोख राज्य सरकारान दवरला. हेर राज्याच्या तुलनेत गोय राज्य सगळया भौशीक सुविधेच्या निकशाचेर मुखार आसा असो विस्वास मुखेलमंत्र्यान ह्यावेळार व्यक्त केला

DIP 75

केंद्रीय गृह मंत्रालयाचे राष्ट्रीय आपत्ती वेवस्थापन प्राधिकरण दर वर्सा व्यक्तींक आनी संस्थांक आपत्ती वेवस्थापनाच्या मळार तांणी केल्ल्या उत्कृश्ट कामगिरीची वळख करून दिवपा खातीर सुभाष चंद्र बोस आपदा वेवस्थापन पुरस्कार दिता. दर वर्सा 23 जानेवारीक नेताजी सुभाष चंद्र बोस हांच्या जल्मदिसाक हो पुरस्कार जाहीर करतात. 2026 वर्साच्या पुरस्कारा खातीर ऑनलायन अर्ज मागयल्यात. ऑनलायन अर्ज प्रक्रिया 1 मे सावन सुरू केल्या आनी ती 30 सप्टेंबर मेरेन चालू आसतली. पुरस्कारा विशीं चड म्हायती आनी ऑनलायन अर्ज फॉर्म awards.gov.in ह्या संकेतथळार उपलब्ध आसा.

DIP 50

कृषी संचालनालयान कृषी कार्ड आशिल्या सगल्या शेतकऱ्यांक आपल्या आधार लिंक बॅंक खात्याची माहिती, संबंधित विभागिय कृषी कार्यालयाक दिवपाची विनवणी केल्या. शेतकऱ्यांनी नमुन्यातले अर्जासयत बॅंक पास बुकची कॉपी, कॅन्सल्ड चेक संबंधित विभागिय शेती कार्यालयात सुपूर्द करची. लाभार्थी शेतकऱ्यांक सगल्या येवजण्याची अनुदान रक्कम आधार पेमेंट पध्दतीन वितरीत जातली. ते खातिर आधार कार्ड बॅंक खात्याकडे जोडप गरजेचे आसा

DIP 80

भारत सरकाराच्या युवा वेव्हार आनी खेळां मंत्रालयान "टेंझिंग नोर्गे नॅशनल ॲडव्हेंचर ॲवॉर्ड 2024" खातीर नामांकनां मागयल्या. साहसी मळार येसस्वी व्यक्तींक मान दिवपाक हो पुरस्कार दितात. जमीन , उदक आनी हवेचे साहसी कार्यावळीं खातीर दरेकीं एक पुरस्कार दितात. ते भायर साहस मळार "जीवनगौरव" खातीर पुरस्कार दिवपाचीय तजवीज केल्या. उत्कृष्ट कामगिरी केल्ले आनी उत्कृश्ट फुडारपणाचे गूण, साहसी भावना आशिल्ले आनी फाटल्या तीन वर्सांत म्हळ्यार 2022, 2023 आनी 2024 वर्सा जमीन , उदक आनी हवेचे अशा एका विशिष्ट साहसी क्षेत्रात सातत्यान कामगिरी केल्ले इत्सूक उमेदवार आपले अर्ज सादर करूंक शकतात.

IMD 70

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 28.8  डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 23.2  डिग्री सेल्सिअस आनी हवेतली आर्द्रता 95% नोंद जाला. राज्यात फुडले चार दिस 30-24 डिग्री सेल्सिअस  तापमान आसतले आणि फुडले चार दिस काय वाठरांनी व्हडा प्रमाणात पावस पडू येता  अशे वेधशाळेन कळीत केला

स्पोर्ट्स 40

कसोटी क्रिकेटांत लीड्सच्या हेडिंगली हांगा सुरू आशील्या अँडरसन-टेंडुलकर ट्रॉफीचे पयले मॅचींत भारतान इंग्लंडाक 371 धांवड्यांचें लक्ष्य दीलां. लक्ष्याचो फाटलाग करपी  इंग्लंड काल रातीं चवथ्या दिसाचो खेळ सोंपलो तेंना बिनबाद 21 धांवड्यर खेळतालो . ताचे आदीं भारताचो दुसरो डाव 364 धांवड्यांर  सोंपलो